**04.02.2025 @ 7.20 pm**

**नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दिता**

190

हरीत कराच्या माध्यमांतल्यान मेळपी निधी हो फुडाराक अक्षय उर्जेक प्रोत्साहन दिवपा खातीर साधन सुविधा उभारपा खातीर खर्च करतले अशें मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी प्रस्नोत्तर वरा वेळार विधानसभेंत सांगलें. सर्वोच्च न्यायालयाच्या आदेशा प्रमाण कोळसो येरादारी करपी कंपन्यांकडल्यान 50 टक्के हरीत कर वसूल केला अशी जाप मुखेलमंत्री डॉ सावंत हांणी दिली. विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमांव हांणी हें विशीं विधानसभेत प्रस्न उपस्थित केल्लो. कोळसो येरादारी खातीर 2012 त लागू केल्ल्या हरीत कराचे हजारांनी कोटी रूपया जिंदाल, जेएसडब्ल्यू आनी हेर कंपन्यांनीं भरूंक नात. हो व्हडलो घोटाळो आशिल्ल्याचो आरोप ह्या वेळार युरी आलेमांव हांणी केलो. सभाघर समिती स्थापन करून ह्या प्रकरणाची चवकशी करची अशीय मागणी तांणी केली.

येता त्या स म्हयन्यां भीतर गोंय जैवविविधताय मंडळा कडल्यान गोंयातल्या सगळ्या मीठागरांचें सर्वेक्षण जातलें अशें आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी दिलां. गोंयच्या मिठागरांनीं तयार जावपी मीठाची राज्यांतल्या उद्येगांक पुरवण करतले अशें तांणी विधानसभेंत आमदार विरेश बोरकार हांच्या

प्रस्नाक जाप दितनां प्रस्नोत्तर वरां वेळार सांगलें.गोंयातली मीठागरां दायज स्थळ तशेच पर्यटन सुवात म्हूण जाहीर करपाचे आश्वासन मुखेलमंत्री डॉ प्रमोद सावंत हांणी दिलां . मीठागराचे संवर्धन करतना कैंद्र सराकरावतीन राबोवपी नमक आवाज येवजणेचो लाव गोंयच्या मीठागरांनी काम करपी मनशांक मेळोवन दिवपाखातीर सरकारान यत्ज्ञ करचे अशी मागणी ह्यावेळार आमदार विरेश बोरकार हांणी केला.

## मुंडकारांक भिवपाची गरज ना

## ३ सुनावण्यांनी मुंडकार खटले निकालात

मुंडकार खटले निकालात काडपाची प्रकीया नेटान सुरू आसून २ वर्सांत २८४५ खटल्यां पयकी २३२३ खटले निकालात काडल्या. नवे अर्ज येत आसले कारणान सध्या २४०८ खटले प्रलंबित आसा. तीन सुनावण्यांनी मुंडकार खटले निकालात काडले वतात, हाका लागून मुंडकारांनी भिवपाची गरज ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सभाघरात शुक्रारा राती सांगलें.
मुंडकारांनी बेगिनात बेगिन अर्ज करचें. सुनावणी घेवन डिसेंबर २०२६ मेरेन सगळे अर्ज निकालात काडटले, अशें मुखेलमंत्र्यांनी चर्चेवेळार सांगलें.
मुंडकार कायद्याखाला मुंडकारांचे खटले बेगिनात बेगिन निकालात काडपा खातीर खासा यंत्रणा तयार करची,

अशी मागणी करपी खासगी प्रस्ताव आमदार जीत आरोलकार हांणी सभाघरात मांडलो. ह्या प्रस्तावाचेर बरोच तेप चर्चा जाली. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या आश्वासना उपरांत जीत आरोलकार हांणी हो प्रस्ताव फांटी घेतलो. आमदार उल्हास नायक तुयेकार, डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, विरेश बोरकार, दिलायला लोबो, मायकल लोबो, अलेक्स रेजिनाल्ड, निलेश काब्राल, विरोधी पक्ष फुडारी निलेश काब्राल हांची भाशणा जाली. येणावळ खात्याचे मंत्री बाबूश मोन्सेरात हांणी मुंडकार खटल्यांच्या स्थितीची म्हायती दिली.

विनियोग विधेयक २०२५ सभाघरात संमत

अंदूच्या अर्थीक वर्सा ४५०० कोटी मेरेन रिण घेवपाची मान्यताय आसताना सरकारान १०५० कोटींचे रिण घेतला. केंद्रा कडल्यान राज्याक ३०० कोटीं सयत अतिरिक्त ११८५ कोटींचो निधी मेळ्ळा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी विनियोग विधेयकावेल्या चर्चेक जाप दितना सांगलें. गोंय विनियोग विधेयक २०२५ शुक्रारा राती सभाघरात संमत जाले.
राज्याचे अर्थीक वेवस्थापन योग्य आसा. निती आयोगान अर्थीक वेवस्थापनात गोंयाक तिसरी सुवात दिल्या. अर्थसंकल्पी तूट तशेच रिण फारीक करपाचे प्रमाण योग्य आसा. फाटले वर्सा ४३०० कोटी मेरेन रिण घेवपाची

मर्यादा आशिल्ली. तरी फाटले वर्सा सरकारान २५00 कोटींचे रिण घेतले, अशी म्हायती मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली.

आमदार विजय सरदेसाय, वेन्झी व्हिएगस, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांची भाशणा जाली.

कॅश फॉर जॉब भानगडेची एसआयटीमार्फत चवकशी करपाची मागणी आमदार विजय सरदेसाय हांणी केली. राज्यात शिपिंग उद्देग सुरू करपाक वाव आसा. शिपिंग उद्देग सुरू करपाची मागणी आमदार वेन्झी व्हिएगस हांणी केली. युरी आलेमाव हांणी स्मार्ट सीटीच्या कामाच्या दर्जाचेर टीका केली. बाबत कामा करपी कंत्राटदारांचेर कारवाय करपाची मागणी युरी आलेमाव हांणी केली.

110

2047 मेरेन विकसीत भारत साध्य करपा खातीर धाडसी सुदारणा, शाश्वत उर्जा धोरणां आनी जागतीक वेपारांत फुडारपणची भूमिका महत्त्वाची आसतली अशें सरकारी विचार मंडळ नीती आयोगान सांगलां. भारताची जागतीक वेपारी स्थिती वाडोवपाचे संभाव्य मार्ग म्हणून वेपार उदारीकरण, दर उणो करप आनी तंत्रीक सहकार्याचो सोद लायला अशें तातूंत म्हणलां. हें निरिक्षण नवी दिल्लींत निती आयोगान आयोजीत केल्ल्या ‘विकसीत भारत @

2047: अर्थवेवस्था, राष्ट्रीय सुरक्षा, जागतीक भागीदारी आनी कायद्याचें राज्य घटमूट करप' परिशदेंत पॅनेलच्या सदस्यांनी मांडले.संशोधन आनी विकास, अर्थीक एकात्मता, आनी जागतीक पुरवण साखळींत खाजगी क्षेत्राची गुंतवणूक वाडोवपाची गरज आसा हाचेर पॅनेलच्या सदस्यांनी भर दिलो. 2047 मेरेन विकसीत भारत साध्य करपा खातीर धाडसी सुदारणा, टिकावू उर्जा धोरणां आनी जागतीक वेपारांत फुडारपणाची भुमिका म्हत्वाची थारतली हाचेर एकमत जाले अशें तातूंत म्हणलां.

65

सरकारान 2022-23 ते 2025-26 या कालावधीखातीर स्किल इंडिया कार्यक्रमाक 8,800 कोटी रुपया मंजूर केल्यात. माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लीत प्रसारमाध्यमांक माहिती दिताना सांगले की, मागणी-आधारित कुशळताय विकास हे सरकारचे लक्ष आसा आणि अभिसरण आणि गुणवत्ता वाढीर भर दितले . तांणी म्हणले की, देशभरातली मागणी-चलित, तंत्रज्ञान-सक्षम आणि उद्योग-

संरेखित प्रशिक्षण एकठांय करून कुशल, फुडाराखातीर  कर्मचारी तयार करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेक हे अधोरेखित करता अशेय सांगले

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें सांजेच्या ७. २० मिनिटांचेर नमस्कार